18 January 2025 सकाळी - 7.25

आकाशवाणी पणजी

Lokotsav - 100

भारत देश विविधतायेन नटला.ह्या विविधतायेचे दर्शन लोक संस्कृतितल्यान दीसुन येता,आनी ताका लागुनुच कलाकारांचे योगदान अमुल्य आसा अशे मत मुखूलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी व्यक्त केला.ते पणजे 24 व्या लोकोत्सवाच्या उदघाटन सुवाळ्यावेळार उलयताले.

कलाकारांच्या कल्पकतेनसुन तयार जावपी हस्तकलेक तशेंच लोकसंस्कृतायेचे दर्शन घडोवपी कलाकारांक माची दीवपाच्या हेतान लोकोत्सवाचे आयोजन गोंय सरकार करता अशे ह्यावेळार मंत्री गोवांद गावडे हांणी म्हणला.

ह्यावेळार राज्यसभेचे खासदार सदानंद शेट तानावडे,भाजपाचे राशट्रीय सरचीटणीस सुनील बन्सल हाजीर आशील्ले.मानेस्तिंच्या हस्तुकी माले पेटोवन लोकोत्सवाचे उक्तावण जाले.

कला अकादमीच्या दर्या संगम वाठारात लोकोत्सवाचे आयोजन केला.ह्या लोकोत्सवात 15 राज्यातले 600 परस चड कलाकार तशेच हस्तकारागीरांनी वाटो घेतला.जाल्यार लोकोत्सवात पयलेच फावट आदीविसी समाजाच्या कलाकृतीचे दालन उबारला. कला अकादमीत फुडले 9 दीस लोकोत्सवाचे आयोजन केला.

गोवा कोंकणी अकादेमी

गोवा कोंकणी अकादेमीन 2022, 2023 आनी 2024 वर्सांखातीरचे साहित्य आनी भाशा सेवा पुरस्कारांची घोशणा केल्या. मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे हस्तुकी राजभास वर्धापन दीस सुवाळ्यात 4 फेब्रुवारीक ह्या पुरस्कारांचे वांटप जातलें. ही कार्यावळ सांजे वेळार राजभवनातल्या दरबार हॉलात जातली, अशी म्हायती कोंकणी अकादेमीचे अध्यक्ष वसंत सावंत हांणी पत्रकार परिशदेंत दिली.

रमेश घाडी, सम्राट बोरकार, भूषण भावे, संजय बोरकार, सुरेश काकोडकार, रामानंद रायकार मेळोन वट्ट 48 जाणाक तीन वर्सां खातीर पुरस्कार मेळ्या. रोख 25 हजार, शाल, भोवमानपत्र अशें पुरस्काराचे स्वरूप आसा.

Sushant 130

केपेच्या आदिवासी संघटनेन दोन दिस कपेला भाट दियांव ह्या सुवातेर आदिवासी उत्सवाचे आयोजन केला. दनपरां ३ वरांचेर समाजकल्याण मंत्री सुभाष फळदेसाय हांचे हस्तुकीं ह्या उत्सवाचे उक्तावण जातले. कुडचडेचे आमदार निलेश काब्राल हेय त्यावेळार हाजीर आसतले. अशी म्हायती संघटनेचे अध्यक्ष जॉन फर्नांडिस हांणी आयज घेतिल्ल्या पत्रकार परिशदेत दिली. ह्या उत्सवात आदिवासी लोकानाच, आयुर्वेदीक वखदां, पारंपारिक खेळ, आदिवासी कापडां हांची दालनां मांडटले. तसेच वेगवेगळ्या पारंपारिक खेळांचे आनी सर्तींचो ह्या उत्सवात आस्पाव आसतलो अशी म्हायती तांणी दिली.

ह्या उत्सवात १९ जानेवारीक सांजवेळा ३ वरांचेर लोक उत्सवाची कार्यावळ जावपाची आसून मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत तसेच कला आनी संस्कृती मंत्री गोविंद गावडे हे हाजीर आसतले. तर सांजवेळा ५ वरांचेर जावपी समारापाच्या सुवाळ्याक सभापती रमेश तवडकर तसेच आमदार एल्टन डिकॉस्ता आनी आमदार आंतान वाझ हाजीर आसतले.

Sushant 125

साळ न्हंयेत चार सुवातींनी जेटी बांदतले अशी भिरांत ह्या आदी कांय जणांनी उक्तायल्या. मात हे खबरेत कसलेच तथ्य ना. साळ न्हंयेत जेटी उबारपाचो एकूय प्रस्ताव गोंय सरकारा मुखार आयिल्ला ना असो खुलासो बंदर आनी कप्तान खात्याचे मंत्री आलेक्स सिक्वेरा हांणी केलो. कांयजाण बेठेच फटीच्यो खबऱ्यो पातळायतात अशें तांणी सांगलें. मडगावच्या भलायकी केंद्राच्या दुरुस्तीचे काम कांय कारणांखातीर बंद पडिल्ले हे काम २१ जानेवारीसावन परत सुरु करतले.

आयज सिक्वेरा हांची भेट घेवपाक केळशी पंचायतीचे सरपंच डिक्सन वाझ आनी हेर वांगडी आयिल्ले. केळशी वाठारांतले साळ न्हंयेच्या देगेवयले बांद बांदून काडपासंदर्भात तांणी चर्चा केली. हे काम राखडेच हातात घेतले अशें उतर सिक्वेरा हांणी ह्या शिश्टमंडळाक दिले.

Subhash 145

नवे वस्तू संग्रहालय तयार करपाक अर्थीक मजत दिवपा खातीर आनी सद्याच्या संग्रहालयांच्या वेवसायीक उदरगतीक आदार दिवपा खातीर गोवा सरकारान संग्रहालयांक अर्थीक मजतीची येवजण सुरू केल्या. तातूंत निधी मेळोवपाक पात्र आशिल्ल्या संग्रहालयांची दोन गटांत विभागणी केल्या. नव्या सुविधांची स्थापणूक करपाक अर्थीक आदार सोदपी संग्रहालयां खातीर नवे संग्रहालय' गट १ आनी अर्थीकआदार घेवपी सद्याचे संग्रहालय गट २ अशी ही विभागणी आसा. आपली मुळावी बांदावळ, संग्रह आनी संवर्धन विकसीत करपाक आनी वाडोवपाक मदत सोदपी संग्रहालयां ह्या येवजणे खातीर अर्ज करूंक पात्र आसात. अर्थीक मजत मेळपा खातीर वर्सुकी वापर प्रमाणपत्र आनी लेखापरीक्षित लेखा विवरण सादर करचें पडटलें. तशेंच अनुदान मेळ्ळ्या उपरांत संबंदीत संस्थेन पांच वर्सां मेरेन संग्रहालयाच्या कार्यावळींचो आनी कृतीचो अहवाल सरकाराक दिवचो पडटलो. ह्या येवजणे खाला नव्या संग्रहालयां खातीर ५ लाख रुपया मेरेन आनी सद्याच्या संग्रहालयांच्या उदरगत प्रकल्पां खातीर ५ लाख रुपया मेरेन अर्थीक मजत मेळूं येता.

DIP 80

आधार कार्ड रेशन कार्डाक जोडपाक 31 मार्च 2025 मेरेन मुजत वाडयल्या. नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार खात्यान आधार कार्ड रेशन कार्डाक लिंक करूक नाशिल्ल्या सगळ्यां पात्र रेशन कार्ड धारकांक 31 मार्च मेरेन आपले आधार कार्ड रेशन कार्डाक जोडपाची विनंती केल्या. अशां रेशन कार्डधारकांनी आपले आधारकार्ड संबंदीत तालुक्यातल्या नागरी पुरवण कार्यालयांत सुपुर्द करचे, अशे खात्यान कळीत केला.

RASHMI 90

गोंय हे फुडारात robotics आनी coding मळावेले देशातले एक उच्च शिक्षित राज्य जातले असो विस्वास मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी उक्तायला.ते CARES research product launch आनी विद्यार्थ्यांका बक्षीस वाटपाच्या कार्यावळीत उलयताले. गोंयच्या 442 शाळांनी coding आनी robotic शिक्षण सध्या दीतात.

DIP 140

राज्य शिक्षण संशोधन आनी प्रशिक्षण मंडळा वतीन फाल्या गोंय राज्यांतल्या 12 तालुका केंद्रांचेर यत्ता आठवी, णववी, धावी, अकरावी आनी बारावेच्या विद्यार्थ्यांखातीर राज्य पावंड्या वयली विज्ञान प्रज्ञासोद परिक्षा 2024-25 घेतले. उमेदवारांनी परिक्षेक येतना /वांगडा प्रवेश कार्ड (हॉल तिकेट) हाडचे आनी परिक्षा सुरू जावचे आदी कमीतकमी अर्दवर पयली केंद्राचेर हजर रावपाक जाय.

दाल्गादो 30

दाल्गादो कोंकणी अकादेमीन माजोडेंच्या फा. बासिलियो आंद्रादे मेमोरियल उच्च माध्यमीक विद्यालयांत ओपिनियन पोल दीस मनयलो. हे कार्यावळींत गोंयची अस्मिताय आनी संस्कृतायेची राखण करपाचें म्हत्व पटोवन दिलें. मुखेल उलोवपी तियोतिनियो कॉस्ता हांणी डॉ. जॅक द सिक्वेरा आनी गोंयचो ओपिनियन पोल' ह्या विशयाचेर भाशण केलें.

आनी ईतल्यान ह्यो प्रादेशिक खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजीच्या खबर विभागाचे मुखावेले प्रादेशिक खबरापत्र तुमका आयकूंक मेळटलें 7 वरा वीस मिनटांचेर. नमस्कार